**National news 14 Feb 2025….6.30pm**

**1..भारत आनी अमेरि…**

भारत आनी अमेरिकेन 2030 मेरेन द्विपक्षीय वेपार दुप्पट करून 500 अब्ज डॉलर करपाचो निर्णय घेतला अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.आयज वॉशिंग्टन डी.सी.ंत व्हाइट हाऊसांत अमेरिकेचो अध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी केल्या उपरांत संयुक्त पत्रकार बसकेंत उलोवप करतना श्री मोदी हांणी सांगलें, भारत आनी अमेरिकेची भारत-अमेरिका रणनिती भागीदारी फुडें व्हरतले.भारताच्या संरक्षण तयारींत अमेरिकेची म्हत्वाची भुमिका आसा अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें.श्री मोदी हांणी सांगलें, भारत आनी अमेरिकेन आतंकवादाच्या आड झुजांत घट्ट उबे रावल्यात आनी शिमेभायर जावपी आतंकवाद ना करपा खातीर ठोस कारवाय करपाची गरज आसा अशें दोगांय मान्य करतात.अमेररका अध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी म्हणलें, अमेररका आनी भारता मदीं एक खाशेलें नातें आसा – संवसारांतले सगळ्यांत पोरने आनी व्हड लोकशाय.तांणी उल्लेख केलो की, भारत आनी अमेरिके मदीं उर्जे विशीं म्हत्वाची कबलात जाल्या, जाका लागून अमेरिकेक भारताक तेल आनी सैमीक वायूचो मुखेल पुरवणदार जावपाची खात्री जातली.

**2...राष्ट्रपती**

द्रौपदी मुर्मू आयज कर्नाटकाक भेट दितात.

बेंगळुरूंत आर्ट ऑफ लिव्हिंग हे संस्थेन आयोजीत केल्ल्या धाव्या आंतरराष्ट्रीय बायलां परिशदेच्या उक्तावण अधिवेशनाची सोबीतकाय अध्यक्षान केली. ह्या संदर्भार उलयतना राष्ट्राध्यक्ष मुर्मू हांणी सांगलें की, सद्याच्या तंत्रगिन्यानाच्या उदरगतीच्या काळांत आमचीं मनीस मुल्यां अखंड उरचीं हाची खात्री करपाक जाय.

**.3... राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू**

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयतारा नवी दिल्लीच्या मेजर ध्यानचंद स्टेडियमांत आदी महोत्सव 2025 चें उक्तावण करतले. आदिवासी समाजांची उद्देजक भावना, हस्तकला, संस्कृताय, जेवण, वेपाराची परब मनोवपाचो हे कार्यावळीचो हेत आसा.नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना आदिवासी वेव्हार राज्यमंत्री दुर्गादास उइके हांणी सांगलें, वेगवेगळ्या राज्यांतल्या आदिवासी कारागिरांक आनी उद्देजकांक हेरां सयत तांची निर्मिती आनी उत्पादनां दाखोवपा खातीर एक मंच दिवपाचो हे कार्यावळीचो हेत आसा. ह्या कार्यावळींत 600 परस चड आदिवासी उद्देजक एकठांय येतले अशें तांणी स्पश्ट केलें.ह्या कार्यक्रमांत राष्ट्राचो एकचार आनी विविधताय वाडोवपाक कोनशाचो फातर घालपी वेगवेगळे

सांस्कृतीक आनी पारंपारीक कार्यावळी आसतले अशें श्री उइके हांणी उक्तायलें..

**4.भारत आनी ओमानाच्या**

भारत आनी ओमानाच्या परराश्ट्र मंत्रालयांनी संयुक्तपणान आयोजीत केल्ल्या परिशदेंत वांटो घेवपाक ओमानाच्या परराश्ट्र मंत्री आनी भारताच्या परराश्ट्र मंत्रीन बांगलादेशाच्या परराश्ट्र सल्लागाराक आपयलां अशें बांगलादेशाचे परराश्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते मोहम्मद रफीकुल आलम हांणी काल सप्तकी मिडिया ब्रिफींगांत सांगलें.प्रसार माध्यमांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण एका प्रस्नाक जाप दितना प्रवक्त्यान सांगलें, द्विपक्षीय उलोवपाचो अजेंडा अजून निमाणो जावंक ना.

इंडिया फावंडेशनान ओमानाच्या परराश्ट्र मंत्रालयाच्या सहकार्यान 16-17 फेब्रुवारी 2025 दिसा ओमानांतल्या मस्कत शारांत आठवी हिंदु म्हासागर परिशद घडोवन हाडटा. अंदूच्या परिशदेचो विशय म्हणल्यार व्हॉयज टू न्यू होरायझन्स ऑफ मॅरीटायम पार्टनरशिप.हिंदु म्हासागर परिशद इंडिया फावंडेशनान 2016 वर्सा सिंगापूरांत सुरू केल्ली, तातूंत 30 देशांनी वांटो घेतिल्लो. फाटल्या 8 वर्सांत ही परिशद प्रादेशिक वेव्हारा विशीं ह्या वाठारांतल्या देशां खातीर मुखेल सल्लागार मंच म्हणून उबी जाल्या.

**5..गुन्यांवकारी कायदे चालीक**

राज्यांत तीन नवे गुन्यांवकारी कायदे चालीक लावपा विशीं केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहान आयज नवी दिल्लींत महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांचे कडेन नियाळ बसका घेतली. भारतीय न्याय संहिता, भारतीय नागरीक सुरक्षा संहिता, भारतीय साक्ष्या अधिनियम हे तीन नवे गुन्यांवकारी कायदे. महाराष्ट्रांतल्या पुलीस, बंदखणी, न्यायालयां, अभियोग, न्यायालयीन वेवस्थे संबंदीत वेगवेगळ्या नव्या तरतुदींची अंमलबजावणी आनी सध्याची स्थिती हाचे बसकेंत नियाळ घेतलो. हे बसकेंत श्री शाहान महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री फडणवीस हांकां राज्यांतल्या सगळ्या आयुक्तांनी तीन नवे गुन्यांवकारी कायदे बेगीनांत बेगीन चालीक लावपाक सांगलें. तशेंच नव्या गुन्यांवकारी कायद्या प्रमाण अभियोग संचालनालयाची आदर्श वेवस्था स्थापन करची अशें तांणी महाराष्ट्र सरकाराक उलो मारला. हे बसकेक महाराष्ट्राचे डीजीपी रश्मी शुक्ला आनी हेर वरिश्ठ अधिकारीय हाजीर आशिल्ले. फाटल्या वर्सा 1 जुलयाक देशभर चालीक लायिल्ल्या ह्या नव्या गुन्यांवकारी कायद्यांचो हेतू भारताची कायदेशीर वेवस्था चड पारदर्शक, कार्यक्षम आनी समकालीन समाजाच्या गरजे प्रमाण अनुकूल करपाचो आसा.